# बायलां आनी भुरग्यांच्या विकासाखातीर आप वावुरपी संस्थांनी सहकार्य करचे-श्री.राणे

ता.13 एप्रिल 2018
23 चैत्र 1940

बायलां आनी भुरगीं उदरगत खाते कार्यक्षम आनी संवेदनशील करून खात्याच्यो वेगवेगळयो येवजणो समाजातल्या गरजू लोकांमेरेन पावोवपाखातीर सरकार आनी आप वावुरपी संस्थांनी एकठाय येवन प्रयत्न करपाची गरज आशिल्ल्याचे बायलां आनी भुरगीं उदरगतमंत्री श्री. विश्वजित राणे हांणी सांगले.

श्री.राणे आयज आप वावुरपी संस्थांचे प्रतिनिधी आनी संबंदीत अधिका-यांच्या बसकेत उलयताले.

बसकेत बायलां आनी भुरग्यांच्या विकासासंबंदीत साबार प्रस्नांचेर चर्चा जाली. बायलांच्या आनी भुरग्यांच्या विकासाखातीर येवजणांची अंमलबजावणी करपाविशी आप वावुरपी संस्थानी सरकारामुखार सूचोवण्यो आनी प्रस्ताव मांडचे आनी आपले सहकार्य दिवचे अशें श्री. राणे हांणी मागले. खात्याच्या येवजणांची यशस्वी अंमलबजावणी करपाखातीर देखरेख समितीची नियुक्ती करून बायलां आनी भुरग्यां संबंदीत प्रस्न साडोवपाचे यत्न करतले, अशेंय तांणी सांगले.

महिला आयोगाच्या कायद्यात आवश्यक दुरूस्ती करून आयोगाचे कार्य वाडोवपाच्या प्रस्नाचेरय बसकेत चर्चा जाली.